Akashvani Panaji

Regional Bulletin

7.20 pm 12th January 2026

विकसित भारत 2047च्या धर्तीचेर 2037मेरेन विकसित गोंय करपा खातीरचो आराखडो निमणे पावंड्यार पावला. 2037मेरेन विकसित गोंया खातीरची सगळी उद्दीश्टा पुराय जातलीं, असो विस्वास राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी अभिभाशणात उक्तायलो.पाच दिसांच्या शीयांळी अधिवेशनाची सुरवात आयज सोमारा राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचे अभिभाशणान जाली. मुळाव्यो सुविदा, भलायकी, शिक्षण, वीज. भौशीक बांदकाम, शेती, उदका पुरवण, कला, समाज कल्याण, नुस्तेमारी ह्या सगळ्या वाठारातल्या कामगिरीचो नियाळ राज्यपालांनी अभिभाशणात मांडलो. कुशावती ह्या तिसऱ्या जिल्ह्याक लागून मुळाव्यो सुविदा तयार जावन प्रशासन लोकांच्या दारान पावतलें.पयलेच खेपो गोंयचो नक्शो कोंकणीतल्यान तयार जाला. गोंयचे दायज, संस्कृती आनी कोंकणीक उर्बा मेळपाच्या दिकेन म्हत्वाचे पावल आसा. घर नावार करपी म्हजे घर येवजणेक लागून हॅप्पीनेस इंडेक्स वाडटलो, अशी आस्त राज्यपालांनी उक्तायली. 28 फेब्रुवारी 2014 मेरेनची घरा नेमीत करपा खातीर भूंय महसूल संहितेच्या कलम 38 - ए मदी दुरूस्ती. कोमुनिदाद जमिनीतील घरां नेमीत करपा खातीर कोमुनिदाद कायद्यात दुरूस्ती. रूका कायद्याखाला पंचायत वाठारात 600चौमी आनी पालिका वाठारात 1 हजार चौमी मेरेनची बांदकामा जातली नेमीत. जिल्हो पंचायत वेंचणूक घेवपा खातीर राज्य वेंचणूक आयोगाक परबी. आकडेवारीप्रमाण 2023 - 24 वर्सा गोंयचो विकास दर 14.94 टक्के आसा. कायदो सुवेवस्था नियंत्रणात. गुन्यावाच्या तपासाचे प्रमाण 87.72 टक्के.

स्वामी विवेकानंद हांचो मडगाव शारा कडेन आशिल्लो ऐतिहासिक संबंध लक्षात घेवन, मडगाव रवींद्र भवन वाठारांत स्वामींचो पुतळो उबारपाचो संकल्प आज राष्ट्रीय युवा दिना निमित्त जाहीर केलो.स्वामी विवेकानंद मडगांवांत आयिल्ले, देखून ताचो पुतळो मडगाव हांगा उबारपाची मागणी न्याय्य आसा. स्वामी विवेकानंदाचें केंद्र रवींद्र भवन, मडगाव हांगा आसा, ते खातीर तांचो पुतळो ह्या वाठारांत उबारप योग्य थारतलें अशें भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी आयज सांगलें.स्वामी विवेकानंदाची 163वी जयंती रवींद्र भवनान मनयली. त्या वेळार ते मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार रवींद्र भवनचे आदले अध्यक्ष दामू नायक, रवींद्र भवन अध्यक्ष राजेंद्र तालक, उपाध्यक्ष मनोहर बोरकार, वांगडी सचीव आशा हरमलकर, आनी मुखेल वक्ते वल्लभ

केळकार हे हाजीर आशिल्ले. ताणी फुडें सांगलें की आयचे तरणाटे भटकून वतात. देखून कांय जाण तांचो गैरवापर करून समाजीक समस्या निर्माण करतात. अशा प्रवृत्तींच्या भकीक पडनासतना तरणाट्यांनी स्वामी विवेकानंदाच्या आदर्शां कडेन वचप गरजेचें आसा अशें कामत हाणी सांगलें. ह्या निमतान ॲड. सिद्धी परोडकर, कल्वीता नायक, डॉ आकाश रिंगणे, शुभम नायक. निलय नायक हांकां यंग अचीवर्स पुरस्कार दिवन भोवमान केलो.ते उपरांत कन्याकुमारीच्या विवेकानंद केंद्राचो गोंयकार निमंत्रक वल्लभ केळकार हाणें स्वामी विवेकानंदाच्या जिविताचेर आनी वावराचेर व्याख्यान दिलें.

ल्हान भुरग्याखातीर आशिल्लो तिसरो बुलबुल आंतरराश्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सव फाल्या १३ जानेवारीसावन मडगावच्या रवीन्द्र भवनात सुरु जाता. फाल्यां सांजवेळा ५ वरांचेर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी ह्या महोत्सवाचे उक्तावण जातले. राष्ट्रीय स्तराचेर पुरस्कार प्राप्त जाल्ले नागराज मंजुळे हे ह्यावेळार हाजीर आसतले.ह्या महोत्सवात गोंयांतल्या सगल्या वाठारांतल्यान शाळांतले विद्यार्थी वांटेकार जावपाचे आसून भुरग्यांखातीर सिनेमा वांगडाच वेगवेगळ्यो सर्ती, कार्यशाळा आनी मनरिजवणेच्यो कार्यावळी घडोवन हाडल्यात. फाल्या रोहन मापुसकर हांच्या ‘एप्रिल-मे ९९’ ह्या मराठी चित्रपटान ह्या महोत्सवाची सुरुवात जातली. वेगवेगळ्या ३२ भाशांतले ल्हान भुरग्यांचे चित्रपट ह्या महोत्सवात दाखयतले. गा◌े◌ंयांतले ११० परस चड शाळांनी ह्या महोत्सवाखातीर नोंदणी केल्या अशी म्हायती ह्या महोत्सवाचे संचालक बिपीन खेडेकार हांणी दिली.

17-19 जानेवारी ह्या काळात गोंय रान म्हामंडळान  गोय रान महोत्सवाचे आयोजन केला अशी म्हायती म्हामंडळाची अध्यक्षा देविया राणे हीणे दील्या.पणजे कांपाल Art park जातले.ह्या महोत्सवाचे उक्तावण सांजेच्या साडेपाच वराचेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जातले. जाल्यार महोत्सवाचे उरील्ले 2 दीस सांजेच्या 5 वराचेर कार्यावळी सुरू जातले.गोंयची राना ,रानाची संस्कृताय,रानात रावपी आदीवासी समाजाची जीवनशैली,पारंपारीक खाणा जेवणा,खेळ,लोककला,लोकनाच हांचे प्रदर्शन जातले.हे शिवाय eco tourism,home stay,देवराई, वखदी झाडा तशेंच हेर वीशयाचेर उलोवप जातले.पर्यटकांमुखार तशेंच गोंयच्या तरणाट्यामुखार  गोंयच्या  रानांची गिरेस्तकाय दाखोवपाच्या हेतान  ह्या महोत्सवाचे आयोजन केला.हे शिवाय गोंयच्या रानानी जावपी रान भाजयो,तशेंच हेर पिकावळी हांगा विकपाक आसतले.ह्या महोत्सवात आप मजत गटांची खाणा जेवणाची दालना आसतली.जाल्यार फुडारात ह्या art parkअशा पद्धतीची 20 दालना कायम आसतली अशी म्हायती देवीया राणे हीणे दील्या.ह्या महोत्सवाचे आयोजन plastic मुक्त, आनी eco friendly पद्धतीन करतले.रान म्हामंडळावतीन ह्या तीन वर्सात  सुमार 600 hectre जमनीत काजुचे रोपे लायल्यात अशी म्हायती देविया राणे हीणे दील्या.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या परीक्षा पे चर्चा कार्यावळीत वाटो घेवपाक राज्यातल्या विद्यार्थ्यांनी व्हिडीयो भाषण सर्तीत वांटो घेवन आपल्याक पात्र थारावचो अशें आवाहन गोवा राज्य शिक्षण संशोधन संस्थेन केला. परीक्षा पे चर्चा कार्यावळीची ९वी आवृत्ती ह्या म्हयन्याच्या तिसऱ्या सप्तकांत जावपाची आसा. परीक्षा पे चर्चा कार्यावळ कित्याक महत्वाची ? वा आत्मनिर्भर भारत तशेंच स्वदेशी ; विकसीत भारत २०४७ घडोवपाक कितली महत्वाची आसा अशा दोनापैकी एका विशयाचेर विद्यार्थ्यांनी आपलो व्हिडीयो शाळांक दिल्या लिंकाचेर अपलोड करचो अशें आवाहन GSCERT न केलां. ह्या संबंधीची सगळी म्हायती शाळांच्या मुख्याध्यापकांकडेन उपलब्ध आसा अशेंय GSCERT न कळीत केलां.

गोंय सरकाराच्या उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या सहकार्यान स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळ, बोरीच्या ग्रंथालय विभागान "स्मार्ट साधनां, स्मार्टर सेवा: ग्रंथालय संसाधन हाताळणी कार्यशाळा" ह्या विशयाचेर दोन दिसांची राष्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. ही कार्यशाळा 19 ते 20 जानेवारी 2026 दिसा पणजेच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या बहुउद्देशीय सभाघरत जातली.म्हाविद्यालयाच्या अंतर्गत गुणवत्ता आश्वासन कक्ष (आयक्यूएसी) आनी ग्रंथालय आनी म्हायती विज्ञान विभागान आयोजीत केल्ल्या हे कार्यशाळेचो उद्देश म्हळयार ग्रंथालय वेवसायिकांक आधुनीक तंत्रीक कुशळटाय आनी अभिनव तंत्रां दिवन सज्ज करप, ग्रंथालय सेवा वाडोवप आनी सगळ्यांक सुलभ करप. मुखेल वक्ते डॉ.संगीत कौल आनी ह्या मळार हेर तज्ञांच्या मार्गदर्शना खाला हातमाग सत्रां कार्यशाळेंत आसतल्यो. मुखेल विशयांत कृत्रीम बुद्धी आदारीत वर्गीकरण प्रणाली, संस्था संग्रह, नदरेक अपंगत्व आशिल्ल्या वापरप्यां खातीर संगणक साक्षरताय उपाय, तशेंच समावेशक आनी वापरप्यांक सोंपें अशें लायब्ररी वातावरण तयार करपा खातीर उत्तम पद्दतींचो आस्पाव आसतलो.पारंपारीक वाचनालय सेवा आनी डिजिटल युगाच्यो मागणी हांचे मदलो फरक भरपा खातीर ही कार्यशाळा तयार केल्या अशें कार्यशाळेची समन्वयक आनी कॉलेजीची ग्रंथालयीन श्रीमती . सोनिया मुकेश देसाय. हाणी म्हळा.

आठव्या गोंय विधानसभेच्या बाराव्या अधिवेशनाचो पयलो दीस सोमारा विरोधकांच्या बोवाळान सुरु जालो., विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी राज्यपालाचे अभिभाशण सुरु जताकच सुरवेकुच बर्च बाय रोमियो लोन अग्नीकांड प्रकरणाचो विशय विरोधी आमदारांनी लांवन धरल्लो. ह्यावेळार आमदार एल्टन डीकोस्, कार्लुस फरेरा, विजय सरेदसाय, विरेश बोरकार, कायतु सिल्वा, तशेच विरोध पक्षातल्या हेर वांगड्यांनी सभाघरात बर्च अग्नीकांडाच्या विशयाचे तक्ते दाखोवन खोलायन चवकशी , तशेच सरकारा अपयेसी थारिल्लय वेगवेगळय विशयाचेर उलोवप करपाची मागणी केली.

पणजी वेदशाळेन दिल्या महितीप्रमाण पणजेत चडांतचड तापमान 32 आणि उण्यात उणे २०  नोंद झाला

लईराई फुटबॉल पंगडांन आमदार चषक उभारलो . मायेच्या आमदार प्रेमेंद्र शेट हानी आयोजित केल्ले आमदार चषक मे २०२५-२६ फुटबॉल सर्तींत लाईराई फुटबॉल पंगडां वस्तादपणाचो करंड उभारलो